आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

20/01/2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

1 नव्या वर्सांच्या पयल्या अधिवेशनाचे कामकाज निश्चित करपा खातीर विधानसभा कामकाज सल्लागार समितीची 23 जानेवारीक सकाळीं 11.30 वरांचेर विधानसभा संकुलांत बसका जातली.

2 मुरगांव बंदर ते बायणा चार पदरी मार्गाक जोडिल्ल्या नव्या हुबत्या पुलाचें उक्तावण 2500 कोटी रुपया मोलाच्या चार म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पांची बुन्याद केंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांचे हस्तुकी फाल्यां घालतले.

3 देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी 2025 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनयतले.

4 वास्को शारान्त उबारिल्ल्या नुस्त्या मार्केट प्रकल्प बांदून तयार जाल्ल्यान फुडल्या कांय दिसां भितर तो सुरू करपाचें सरकाराचो विचार

आता पुराय खबरो

-------------

Ganesh

नव्या वर्सांच्या पयल्या अधिवेशनाचे कामकाज निश्चित करपा खातीर विधानसभा कामकाज सल्लागार समितीची 23 जानेवारीक सकाळीं 11.30 वरांचेर विधानसभा संकुलांत बसका जातली. दोन दिसांच्या अधिवेशनाचे कामकाज बसकेंत चर्चा करून थारायतलें. विधानसभा सचीव नम्रता उल्मन हांणी ही म्हायती दिली. 6 आनी 7 फेब्रुवारी अशें दोन दीस विधानसभा अधिवेशन जातलें. हें वर्साचें पयलेंच अधिवेशन आशिल्ल्यान राज्यपालांच्या अभिभाशणान ताची सुरवात जातली. बिरेस्तारा 6 फेब्रुवारीक राज्यपालांचे

अभिभाशण जातलें. हेर कसलेंच कामकाज जावचें ना. दुसरो दीस खाजगी कामाचो दीस आसतलो. आमदारांचे खाजगी थाराव चर्चे खातीर घेतले. शून्य प्रहर, लक्षवेधी सुचोवण्यो तशेंच खाजगी थाराव हांचे विशीं हे बसकेंत चर्चा जातली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार, आमदार विजय सरदेसाय, विरोधी फुडारी युरी आलेमांव, आमदार वेंझी व्हिएगस हे कामकाज सल्लागार समितीचे वांगडी आसात. दोन दिसांचें अधिवेशन घेवपाच्या निर्णयाचेर कॉँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड आनी आप हांणी टिका केल्ली. अभिभाषणाक लागून फकत एका दिसाचें अधिवेशन जातलें देखून प्रस्न उप्रासपाची संद मेळची ना अशें मत विरोधी पक्षांनी मांडलां.

Santosh

केंद्र सरकाराच्या आर्थिक पालवान मुरगांव बंदर ते बायणा चार पदरी मार्गाक जोडिल्ल्या नव्या हुबत्या पुलाचें उक्तावण केंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांचे हस्तुकी फाल्यां मंगळारा सांजवेळा जातलें. गडकरी 2500 कोटी रुपया मोलाच्या चार म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले. केंद्रीय मंत्र्यालयान हया चार प्रकल्पाक हालीच मंजुरी दील्या. राज्यांत जोडणी सुदारप आनी मुळावी बांदावळ वाडोवप हो प्रकल्पांचो हेत आसा. ह्यावेळार केंद्रीय मंत्री सर्बानंद सोनोवाल, केंद्रीय मंत्री श्रीपद नायक, डॉ. प्रमोद सावत आनी हेर मानेस्त हाजिर आसतले

DIP

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी 2025 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनयतलो. राज्य पांवड्यावयलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो सकाळी 8.30 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले. 26 जानेवारी 2025 दिसा

दनपारां 11.00 वरांचेर सत्तरीतल्या नाणूस किल्ल्याचेर आयोजीत कार्यक्रमात राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपतले. पर्येच्यो आमदार डॉ. देविया राणे ह्यो राणे बंडाच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपतले. तशेंच हेर मानेस्त स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपतले.

Rashmi

गोयांत येवपी पर्यटकांक सवाय मोलान रावपाक विला दीता अशे म्हण सांगुन विला बुकींग ओपरेटर म्हण भासोवन तोपी घालपी चार जाणांक गोय पुलिशेत अटक केल्या.आॅनलायन बुकींगाच्या माध्यमातल्यान वीलांचे फोटो घालुन थंय रावपाक एडवांन्स पयशे घेवन पर्यटकांक हे चार जाण लुट्टाले.मात उपरांत गोयांत येतकच असो विला गोयांत ना वा फोन केल्यार संबंधित एजंन्टांचो फोनूच ना लागिल्यान साबार पर्यटकांनी आपली फसवणुक जाल्यांची कागाळ गोय पुलिशेकडेन केल्ली.2022 सांवन सुरू आशिल्ल्या ह्या स्केमावरवी 500 जणा परस चड जाणांक तोपी घाल्ल्याची म्हायती उत्तर गोय पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हांणी दील्या.तशेंच ह्या स्कॅमात घुसपिल्ल्या हैदराबादचे तीग जाण आनी ग्वालीयरच्या एका मनशाक अटक केला.हे विशी पुलिस फुडलो तपास करतात.पर्यटकांनी अशा online fruad पासुन सावध रावचे अशे आवाहन ह्यावेळार गोंय पुलिशेन केला.

Sushant

येत्या स महिन्यात मडगावशार प्लास्टिक मुक्त करपाखातीर मॉडेल मडगाव आणि सम्राट क्लब मडगाव हाणी मोहीम सुरू केल्या. बाजारांतलो प्लॅस्टिकाचो वापर उणो जावचो हे खातीर बायोडीग्रेडेबल पोतयो ताणी वेपाऱ्यांक वाटल्यो. हे मोहिमेत हेर काय संस्था व्यापारी, गिरायका आणि नागरिकांमदी जागृताय हाडतले अशी माहिती सम्राट क्लबचे वांगडी दामोदर बोरकर हाणी दिली.

आज 100 टक्के बायोडीग्रेडेबल व 100 टक्के कम्पोस्टेबल पोतयो वाटपाच्या कामाचो आरंभ मडगाव न्यू मार्केट हांगाच्या पिंपळकट्ट्या वेल्यान सुरू जालो. या वेळार मॉडेल मडगावचे योगिराज कामत, सम्राट क्लब मडगावचे अध्यक्ष योगिराज बोरकार, सचिव सुहास भट, भांडारी दामोदर बोरकर, न्यू मार्केट व्यापारी संघटनेचे अध्यक्ष गोपाळ नायक तसेच हेर मानेस्त उपस्थित आसले.

Sushant

रवींद्र भवन मडगांव हांगा हालीच लोककवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय जल्मशती वर्साचो उत्सव मनयलो. मनोहरराय सरदेसाय हे एक नामनेचे कोंकणी कवी, लेखक आनी फ्रेंच भाशेचो एक विद्वान आशिल्ले. ताणी कोंकणी कवितेक राष्ट्रीय पांवड्यार नामना मेळोवन दिल्ली. ह्या वेळार राजेश मडगांवकार, सोनिया शिरसाट, दिव्या चाफाडकर आनी गौतमी हेदे बांबोळकार हांणी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांणी बरयिल्ल्या गितांचेर आदारिल्ली संगीत कार्यावळ सादर केली. गोंयचे नामनेचे संगीतकार विष्णु शिरोडकार, रोहित बांदोडकार, मांगल्य कोसकार, प्रकाश आमोणकार, अनिकेत दड्डिकार हाणी संगीत साथ केली. डॉ मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जिणेंतल्या साबार ज्ञात तशेंच अज्ञात घडणुकांचेर आनी तांच्या जिणे प्रवासाचेर संजना पब्लिकेशनस हे प्रकाशन संस्थेन उजवाडा हाडिल्ल्या पुस्तकाचें ह्यावेळार विमोचन जालें. एड. उदय भेंब्रे, ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेते दामोदर मावजो, साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाल्ले माधव बोरकर आनी मुकेश थळी तशेंच माया सरदेसाय, डॉ हनुमंत चोपडेकार, उमेश सरदेसाय, सुनील सरदेसाय, मित्रा बोरकार, शैलेंद्र मेहता आनी डॉ. राजय पवार हांणी डॉ मनोहरराय सरदेसाय हांच्या ताच्या कोंकणी भाशीक चळवळीक दिल्ल्या योगदानाचेर ऊलोवप केलें. गोंयचे युवा कवी रजत अशोक हेगडे, सुप्रिया काणकोणकार आनी ममता दीपक वेर्लेकार हांचो डॉ. मनोहरराय सरदेसाय युवा सृजन पुरस्करान भोवमान जालो.

Santosh

गोंय राज्य शांर उदरगत प्रधिकरणाच्या आर्थिक पालवान वास्को शारान्त उबारिल्ल्या नुस्त्या मार्केट प्रकल्पाची पळोवणी थाळावो आमदार दाजी साळकार हाणें केली.

हो मार्केट प्रकल्प बांदून तयार जाल्ल्यान फुडल्या कांय दिसां भितर तो सुरू करपाचें सरकारान थारायला. ह्यावेळार उलयताना साळकार हाणें म्हळा, की ह्या मार्केटा भितर २५० जाणांची बसपाची व्यवस्था दुसऱ्या माळयेर फळां विकतल्यांक सुवात आनी ताचे वयर बऱ्यापैकी सभागृह केल्लें आसा. नुस्तें विकपी बायलांनी ताची बरे तरेन कुयदाद घेवप गरजेचें आसा. मुरगांव बंदरातल्यान चार पदरी मार्गाक जोडपी हुबत्या पुलाचेर खोस परगटायताना हाका लागून शारांतल्यान अवजड वाहनां हाचे फुडे नव्या पुलावेल्यान वास्को भायर वचपाक मजत जावन अपघाताचें तशेंच प्रदुशणाचें प्रमाण सुद्धा कमी जातलें अशें वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें म्हळा

Rashmi

गोंयच्या कलाकारांनी तयार केल्यो वस्तु विकपाक तशेंच तांच्या कारागीरीक उर्बा दीवपाक गोंय हस्तकला म्हामंळान साबार महत्वाची पावला उबारल्यात,बेगीनुच पणजे कदंबा बस स्टेण्डाचेर खासा हस्तकला म्हामंडळ कलाकारांक तांच्यो वस्तु विकपाक उक्ते करतले.ह्या दालनात वस्तु दवरपाक ताचे कडल्यान कसलेच शुल्क घेवचे ना अशी म्हायती गोय हस्तकला म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी दीली. आयज तांणी पणजे सुरू आशिल्ल्या लोकोत्सवात हस्तकलेच्यो वस्तु विकपी गोयच्या कलाकारांच्या दालनाची पळोवणी केली,तशेंच वस्तुचो खप कसो चल्ला ताची विचारपुस केली. ह्यावेळार लोकोत्सवात

वस्तु विकपाक फुकट दालना दील्ले खातीर ह्या हस्तकलाकारांनी तांचे उपकार मानल्यात.

Santosh

शेतकी खात्या मार्फत कुठ्ठाळे हांगा माडा पासून विंगड विंगड वस्तू तयार करपाच्या प्रशिक्षण शिबिराचें उक्तावण थाळावो आमदार आंतोन वाज हांचे हस्तुकी जालें.

२० जानेर ते २५ जानेर मेरेन ही शिबीर चलपाचें आसा. ह्या वेळार उलयताना आमदार वाज हाणें म्हळा, की हो एक बरो उपक्रम जावन आसा. गांवांनी बेकार आशिल्ल्या दादले आनी बायलांनी अशा तरेच्या प्रशिक्षणातल्यान स्वावलंबी जावपाची संद मेळटा. ह्यावेळार शेतकी संचालक संदीप फळदेसाय, उपसंचालक दत्तप्रसाद देसाय तशेंच अनील नरोन्हा हाजीर आशिल्ले. सोनू शेटगांवकर हांच्या मार्गदर्शना खाला हे प्रशिक्षण सुरू जाला.

Subhash

मुख्यमंत्री एलपीजी सिलेंडर सवलत येवजणे खाला लावार्थ्यांक दर म्हयन्याक २७५ रुपयाचो लाव मेळोवपा खातीर पुरावो म्हणून आधार कार्ड दाखोवप वा आधार ऑथेंटीकेशन प्रक्रिया करप सक्तीचें आसा. लावार्थ्यां कडेन आधार कार्ड नासल्यार नवें आधार कार्ड जारी जाय मेरेन रेशन कार्ड, मतदान कार्ड, पॅन कार्ड, बँक पासबुक, ड्रायव्हींग लायसन्स वळखपत्र म्हणून वापरू येता.हे संबंदी भौशीक पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालकानी जारी केल्ल्या अधिसुचोवणेंत सरकारी सेवांचो लाव घेतना आधार कार्ड वापरल्यार प्रक्रियेंत पारदर्शकता येता अशें सांगलां. आधार कार्ड आसल्यार लावार्थ्यांक हेर कसलेच कागदपत्रां बगर थेट सेवा सहजतायेन मेळूं येता. हे येवजणे खातीर आधार कार्ड सक्तीचें केलां कारण ताका लागून थेट लावार्थ्यांच्या खात्यांत पयशे घालप सोंपें जातलें.हे येवजणेचो लाव घेवपाक सोदपी पात्र व्यक्तीं कडेन आधार कार्ड आसपाक

जाय. ज्यांचेकडेन आधार कार्ड ना तांकां लागींच्या आधार केंद्रांत वचून नवें कार्ड करप गरजेचें आसा. त्या मनशाच्या घरालागीं तालुक्या पांवड्यार आधार केंद्र ना जाल्यार येवजण चालीक लावपी संस्थांनी अशी सुविधा उपलब्ध करुन दिवची.

Rajashri

युथ हॉस्टेल असोसिएशन ऑफ इंडियाच्या मडगाव केंद्रान ३६ आयतारा 26 जानेवारी मडगावच्या नगरपालिका जर्दीनात 36 वी अखिल गोवा चित्रकला सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त पयली ते दुसरी, तिसरी ते चवथी, पांचवी ते सातवी, आनी आठवी ते धावी यत्ता अशा चार गटांनी जातली. सहभागी विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्रां दितले आनी विजेत्यांक आकर्शक इनामां दितले. इत्सूक शाळांनी आपल्या विद्यार्थ्यांचीं नांवां सचीव, युथ हॉस्टेल असोसिएशन ऑफ इंडिया, मडगाव केंद्र, चॅम्प्स स्पोर्ट्स शॉप,मडगाव, laxmidasmangeshker@ gmail.com ह्या ईमेल वरवीं धाडपाची विनंती आयोजकांनी केल्या.

टपाल

भारतीय संविधान स्वीकारल्याच्या ७५ व्या वर्षाच्या उत्सवानिमित्त टपाल विभागान नवी दिल्लींत तीन दिसांची कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ही कार्यावळ नॅशनल फिलाटेलिक म्युझियमांत जाता आनी सगळ्या पिरायेच्या लोकांक वेगवेगळीं मजेशीर आनी आकर्शक कार्यावळी आसात. संविधानांत आस्पाव केल्ल्या मुल्यांचेर चिंतन करपाक नागरिकांक भाग करप आनी एकचार आनी राश्ट्रीय अभिमानाची भावना निर्माण करप हो हेतू आसा. ह्या महोत्सवा वेळार प्रदर्शन, प्रश्नमंजुषा, टपाल तिकीट सफारी आनी पत्रलेखन सर्त घडोवन हाडटले.

नमस्कार